राष्ट्रीय खबरो

07.02.2026 @ 8.40 am

<u>मुखेल खबरो</u>

- भारताचो फिनटेक प्रवास फक्त नवोपक्रमा खातीरच न्हय तर समावेश आणि लिंग न्याया खातीर आसा हे लक्षात दवरूंक जाय अशे राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हानी म्हणला
- प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी आज सकाळी मलेशियाच्या दोन दिसांच्या दौऱ्या खातीर क्वालालंपूराक वतले
- केंद्रीय गृह आनी सहकार मंत्री अमित शाह आयज सांजवेळार छत्तीसगडाच्या तीन दिसांच्या भोंवडेर रायपूर पावतले.
- 19 वर्सां सकयल्या विश्वचषक 2026 च्या निमाण्या मॅचींत भारतान इंग्लंडाक 100 धांवड्यांनी हारोवन विक्रमी १९ वर्सा सकयली मेच सव्या खेपे जिखली

भारताच्या डिजिटल आणि फिनटेक इकोसिस्टमचो विस्तार जात असताना, सखोल आर्थिक समावेशन, तंत्रज्ञानाचो जबाबदार वापर आणि बायलांचो अधि/काधिक सहभाग वाढवचो अशे आवाहन राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू यांनी भुवनेश्वरात जाल्या 'ब्लॅक स्वान समिटात उलयताना केलो.राष्ट्रपतीन म्हणले की, भारताचो फिनटेक प्रवास फक्त नवोपक्रमा खातीरच न्हय तर समावेश आणि लिंग न्याया खातीर आसा हे लक्षात दवरूंक जाय. त्यांनी नमूद केले की लाखांनी भारतीयां खातीर, फिनटेक एक जीवन/रेखा जाल्या, जाका लागुन थेट लाभ हस्तांतरण, शेतकऱ्यांक वेळार भुगतान आणि लहान व्यवसायां खातीर अखंड डिजिटल व्यवहार शक्य जाल्यात. डिजिटल भौशिक मुळव्या सुविधांच्या परिणामा चेर उजवाड घालताना, राष्ट्रपतीन म्हणले की सत्तावन कोटीं परस अधिक जनधन-खाती उघडल्यात, जातुन छप्पन परस चड बायला आसात,सायबर धोक्यांआड सावध/गिरी बाळगीताना आणि डिजिटल साक्षरता आणि नैतिक तंत्रज्ञान स्वीकारपाच्या गरजेर भर दिताना, त्यांनी बायलांक फक्त वापरकर्ते म्हणून न्हय तर फिनटेक इकोसिस्टमात फुडारी आणि उद्योजक म्हणून पळोवपाचेर भर दिलो

लोकप्रिय संवादात्मक कार्यक्रम "परीक्षा पे चर्चा" च्या नवव्या आवृत्तीत प्रधान मंत्री NARENDRA मोदी HANI विद्यार्थ्यांकडे संवाद साधताना विद्यार्थ्यांक व्हड स्वप्ना पळोवपाचे, भय कमी करपाचे आणि चरि/त्रां/तल्यान प्रेरणा घेवपाचे आवाहन केले. परीक्षेवेळार ताणी परिक्षेच्या ताणतणावक कशें तोंड दिवचें हाचेर विद्यार्थ्यांक मार्गदर्शन केलें.

संवादा वेळार विद्यार्थ्यांक त्यांच्या स्वतःच्या अद्वितीय शिक्षण पद्धतींर विश्वास दवरपाचो सल्लो दिलो, दोन व्यक्ती एकाच पद्धतीन विचार करनात वा वाढना हाचेर ताणी भर दिलो. प्रत्येक विद्यार्थ्याची एक वेगळी शैली आसता आणि स्वतःच्या तयारीच्या पद्धतीर पूराय विश्वास दवरप महत्त्वाचो आसा. विद्यार्थ्यांनी शिक्षक, पालक आणि मार्ग/दर्श/कांनी दिल्यो सूचना जतनायेन आयकुंक जाय आणि खोलायेन समजून GHETLE उपरांत जे उप/युक्त आसा ते स्वीकारपाक जाय अशे ताणी सांगले. प्रधानमंत्र्यानी विद्यार्थ्यांक हेरांची दोळे धापुन नक्कल करपा वाटयाचे त्यांका मेळपी खंयच्याय सल्ल्यात त्यांचे स्वतःचे अनुभव आणि स्वतःची समज जोडपाक प्रोत्साहित केले. मोदींनी अधोरेखित केले की जेन्ना विद्यार्थी मार्गदर्शन आणि आत्मविश्वास एकत्र करतात तेन्ना खरो आत्मविश्वास येता

दरेका विद्यार्थ्याच्या शिकपाचे गती-विशीं शिक्षकांनी संवेदनशील रावपाचो सल्लो प्रधानमंत्र्यानी दिलो. गुणां कडेन वा कुशळटाये कडेन चड झुकल्यार असंतुलन निर्माण जावंक शकता, जाल्यार योग्य समतोल दवरल्यार स्थिरताय आनी वाड सुनिश्चीत जाता अशें तांणी स्पश्ट केलें.

मजगती नरेंद्र मोदी हांचे कडेन गोयच्या ठाणे सत्तरीच्या विध्यार्थी श्रीजीत गड/गिलान आत्मविस्वासान संवाद सादून गेमींगचेर म्हत्वाचो प्रस्न मांडलो. गेमींग हो एक उत्पादक, कुशळटायेचेर आदारिल्लो वेवसाय म्हणून पळोवपा विशीं ह्या वेळार प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी ताका मार्गदर्शन केले.ह्या छंदातल्यान फुडार घडोव येता. गेमींगांत गती आनी लक्ष केंद्रीत करपाची गरज आसा अशें नोंद करून आनी रचनात्मक पद्दतीन ताचो फाटलाग करतना तो एक कुशळटाय म्हणून वळखूक जाता अशे प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी म्हणला.

प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी आज सकाळी मलेशियाच्या दोन दिसांच्या दौऱ्या खातीर क्वालालंपूराक वतले. ऑगस्ट २०२४ त भारत-मलेशिया द्विपक्षीय संबंध 'व्यापक धोरणात्मक भागीदारी' मेरेन पावले उपरांतचो प्रधान मंत्रयांचो हो पयलो दौरो. या दौऱ्यावेळार मोदी त्यांचे मलेशियन समपदस्थ अन्वर इब्राहिम हांचेकडे द्विपक्षीय चर्चा

करतले. ते भारतीय समुदायाच्या सदस्यांकडे तशेच उद्योग आणि व्यावसायिक प्रतिनिधींकडेय संवाद साधतले. प्रधानमंत्रयांच्या भेटीवेळार १० वो भारत-मलेशिया सीईओ फोरमय आयोजित करतले. परराष्ट्र मंत्रालयान म्हणला की, भारत आणि मलेशिया ईतिहासिक, सभ्यता आणि सांस्कृतिक संबंधांर आधारित दीर्घकालीन इश्टागतीचे बंध सामायिक करतात. जगातल्या तिसऱ्या क्रमांकाच्या मलेशियात २.९ दशलक्ष भारतीय डायस्पोराच्या उपस्थितीन हे नाते अधिक घटमुट जाला.

भारत एआय इम्पॅक्ट समिट 2026 चो एक भाग म्हूण आयोजीत केल्ल्या 'एआय आनी ताचो प्रभाव' ह्या संशोधन परिसंवादाक राष्ट्रीय आनी जागतीक संशोधन समुदाया कडच्यान अडीजश्या वयर प्रस्ताव मेळळयात. ही परिशद ह्या म्हयन्याच्या 18 तारखेक नवी दिल्लींत जातली. तातूंत 'ग्लोबल साउथ पोस्टर ट्रॅक' खाला 30 वेंचून काडिल्ले पोस्टर, 'इंडिया फोरम शोकेस' खाला 15 आनी 'स्टुडंट्स शोकेस' खाला 15 पोस्टर सादर करतले. 'ग्लोबल साउथ रिसर्च आनी पोस्टर शोकेस' वेळार ग्लोबल साउथच्या विद्यार्थ्यांनी आनी सहकार पंगडांनी तयार केल्ल्या संशोधन पोस्टरांचें आकर्शक प्रदर्शन घडोवन हाडटले.

केंद्रीय गृह आनी सहकार मंत्री अमित शाह आयज सांजवेळार छत्तीसगडाच्या तीन दिसांच्या भोंवडेर रायपूर पावतले. ह्या भेटी वेळार शाह राज्यांतल्या अंतर्गत सुरक्षा परिस्थितीचो आनी डाव्या विचारसरणीच्या अतिरेकीवादाचो नियाळ घेतले आनी रायपूर आनी जग/दल/पूरांतल्या वेगवेगळया कार्यावळींनी वांटो घेतले. वेळापत्रका प्रमाण ते  आयज सांजवेळा रायपूरांत वरिश्ठ अधिकाऱ्यां कडेन म्हत्वाची बसका घेतले, जातूंत राज्या संबंदीत वेगवेगळया प्रशासकीय आनी सुरक्षा प्रस्नांचेर चर्चा जातली. फाल्यां शाह रायपूरांत डाव्या विचारसरणीच्या अतिरेकी/वादा/विशीं उच्च पांवड्यावेली सुरक्षा बसकेचे अध्यक्षपदार आसतले. केंद्र आनी राज्य सरकाराचे वरिश्ठ अधिकारी तशेंच सुरक्षा यंत्रणांचे  प्रतिनिधी हे बसकेंत वांटो घेतले. 9 फेब्रुवारीक जग/दल/पूरांत जावपी बस्तर पांडम महोत्सवाच्या  समारोप  सुवाळयांत केंद्रीय गृहमंत्री वांटो घेतले .

शेतकार-वळखपत्रां जारी जाल्यांत. 2026-27 मेरेन 11 कोटी शेतकारांक शेतकार वळखपत्रां दिवपाच ध्येय आसा अशी म्हायती कृशी मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी दिली

काल सांजवेळा झिंबाब्वेच्या हरारे शारांत जाल्ल्या 19 वर्सां सकयल्या विश्वचषक 2026 च्या निमाण्या मॅचींत भारतान इंग्लंडाक 100 धांवड्यांनी हारोवन विक्रमी १९ वर्सा सकयली मेच सव्या खेपे जिखली . टॉस जिखून पयली फलंदाजी करपाची निवड केल्या उपरांत फक्त 80 चेंडूंनी एकशे पंचात्तर धांवड्यो करपी वैभव सूर्यवंशीन अप्रतिम आणि विक्रमी खेळान भारताच्या डावाक उर्बा मेळ्ळी. कर्णधार आयुष म्हात्रे हांच्यो त्रेपपन धांवड्यो म्हत्वाच्यो थारल्यो जाल्यार ABHIGYAN कुंडून 40 धांवड्यो जोडून भारतान निर्धारित 50 शटकानी 9 गडे वगडावन 411 धांवड्यो केल्यो. वैभव सूर्यवंशी हांकां मॅन ऑफ द मॅच आनी मॅन ऑफ द सीरीज अशे दोनूय पुरस्कार फावो जाले.

भारतीय हवामान खात्यान उत्तराखंड आनी हिमाचल प्रदेशांत सकाळ आनी रातच्या वेळार फुडले दोन दीस दाट धुकें पडपाचो अदमास काडला. तशेंच देशाच्या उदेंत वाठारांत उण्यांत उणें तापमान 2 ते 3 अंश सेल्सियस ल्हव ल्हव देंवपाचो अदमास उक्तायला. आयएमडीच्या म्हणण्या प्रमाण फुडले दोन ते तीन दीस वायव्य वाठारांत खर वारें येवपाची शक्यताय आसा.